०२.०९.२०२६ सकाळी ८.४० वरां

नमस्कार! आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा विभागावरवी वेदा मणेरीकर तुमका राष्ट्रीय खबरो दिता

मुखेल खबरो

- किर्गिस्तानाची राजधानी बिश्केकांत काल शांघाय सहकार संघटनेच्या म्हळ्यार एससीओच्या 26व्या शिखर सभेंत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी मार्गदर्शन केले.
- संवसारीक अस्थिरताय आनी महामारी उपरांतची आव्हानां आसून लेगीत भारताची 7.8 टक्के अर्थीक वाड 140 कोटी नागरिकांच्या सामुहीक संकल्पाचें प्रतिबिंब आसा अशें प्रधानमंत्र्यानी सांगलें.
- आयज नवी दिल्लींत जावपी जल शक्ति मंत्रालयाच्या विभागीय शिखर सभेच्या समारोप सत्रांत प्रधानमंत्री मार्गदर्शन करतले.
- तळागाळांतल्या वेंचणुकेची प्रक्रिया घटमूट करपा खातीर आयज आनी फाल्या मुखेल वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हांच्या फुडारपणा खाला उचा पांवड्यावेलें शिश्टमंडळ गोंयांत येतलें.
- बेल्जियमाचे प्रधानमंत्री बार्ट डी वेव्हर हांची तीन दिसांची भारत भेट आयज सुरू जाता.

बिश्केक हंगा २६ व्या एस सी ओ शिखर परिषदेक संबोधित करताना, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी वांगडी देशांक, आतंकवादी संघटनाक जावपी पैशांची पुरवण , भरती आणि सुरक्षित आश्रयस्थाना हे नष्ट करपाचे आवाहन केले आणि आतंकवादाविशी दुटप्पीपणाक थारो ना हाचेर भर दिला. जागतिक संघर्ष, झुजा परस संवाद आनी मुत्सद्देगिरीन सोडवपाक जाय अशे मोदी हाणी म्हटला.. प्रादेशिक व्यापार आणि जोडणीक फाटबळ दिताना, सगळ्या देशांनी सार्वभौमत्व आणि प्रादेशिक अखंडतेचो आदर कारपाक जाय अशेय प्रधानमंत्र्यानी सांगले. फुडार्यांनी महत्त्वाच्या सुरक्षा थारावा वांगडा २५ व्या वर्धापन दिसाच्या बिश्केक

जाहीरनाम्याचेर सयो केल्यो. तशेच भारत या वर्सा एस .सी. ओ सिव्हिलायझेशन डायलॉग फोरमच्या पयल्या सत्राचे आयोजन करतलो अशे ठरयले.

संवसारीक अस्थिरताय आनी महामारी उपरांतची आव्हानां आसून लेगीत भारताची 7.8 टक्के अर्थीक वाड 140 कोटी नागरिकांच्या सामुहीक संकल्पाचें प्रतिबिंब आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें. ही गती तिगोवन दवरपा खातीर आनी 2047 मेरेन विकसित भारताची दृश्टी साकार करपा खातीर मेड इन इंडिया उत्पादनांक आदार दिवन आनी व्हॉकल फॉर लोकलाचो प्रचार करून आत्मनिर्भरताय आपणावची अशें श्री मोदी हांणी सांगलें. तशेंच गरजे भायर परकी प्रवासाचेर मर्यादा घालप, परदेशांतल्या लग्नांक वचप टाळप, गरजे भायर भांगर खरेदीचेर आळाबंदा हाडून देशी अर्थवेवस्था घटमूट करपाक आनी स्वदेशी पद्दत घटमूट करपाचो नागरिकांक सल्लो दिलो.

तळागाळांतल्या वेंचणुकेची प्रक्रिया घटमूट करपा खातीर आयज आनी फाल्या मुखेल वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हांच्या फुडारपणा खाला उचा पांवड्यावेलें शिश्टमंडळ गोंयांत येतलें. मडगावातल्या रविंद्र भवनांत जावपी दोन दिसांच्या प्रादेशिक कार्यावळींत वेंचणूक चड सुलभ, प्रभावी आनी पारदर्शक करपा खातीर आयज बूथ पातळेवेल्या अधिकाऱ्यां कडेन संवाद जातलो. फाल्या वेंचणूक साक्षरता क्लब (ईएलसी) आनी ई सी आय नेट हांचे विशीं एक परिशद मतदार जागृताय आनी डिजिटल उपक्रमांचेर तरणाटे आनी भागधारकांक गुंतयतले. परिशदे वांगडाच आयोगाचे मुखेल उपक्रम, नवनिर्माण, आनी कृती दाखोवपी खाशेलें प्रदर्शनय घडोवन हाडटले. शिश्टमंडळांत वरिश्ठ उपवेंचणूक आयुक्त पवन शर्मा आनी आयोगाचे वरिश्ठ अधिकारी आसात.

काल नवी दिल्लींत जाल्ले बसकेंत कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी प्रधानमंत्री धन-धान्य कृषी येवजणेचे प्रगतीचो नियाळ घेतलो. निवडील्ल्या शंबर जिल्ह्यांनी येवजणेची अंमलबजावणी नेटान करप, येवजण्यां मदीं एकवटीतपण घटमूट करप आनी शेतकारांची जिल्हो पातळेचेर कामगिरी सुदारप हाचेर बसकेंत भर दिल्लो. शेतकी उत्पादकता वाडोवप, पिकां विविधताय आनी टिकावू शेतकी पद्दतींक चालना दिवप, कापणी उपरांत सांठोवपाची तांक वाडोवप, शिंपणावळीची मुळावी बांदावळ सुदारप, अल्पकाळ आनी दीर्घकाळांतल्या शेतकी पतपुरवठ्याची सोय आनी शासन आनी सेवा दिवपांत सुदारणा करप अशे स मुखेल उद्दिश्टांचेर हे येवजणेचेर भर दिला.

बेल्जियमाचे प्रधानमंत्री बार्ट डी वेव्हर हांची तीन दिसांची भारत भेट आयज सुरू जाता. हे भेटी वेळार प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे कडेन द्विपक्षीय उलोवणी करतले. दोनूय फुडारी द्विपक्षीय संबंद तशेंच परस्पर हिताच्या प्रादेशिक आनी जागतीक प्रस्नांचेर चर्चा करतले. भारत-युरोपीय संघ मुक्त वेपार करारा संबंदीत वेवसायीक कार्यावळींतय प्रधानमंत्री डी वेव्हर मुखेल भाशण दितले. तशेंच ते मुंबयक भेट दितले, थंय हिरे, बंदरां, लॉजिस्टिक्स ह्या सारक्या क्षेत्रांतल्या वेगवेगळ्या भागधारकां कडेन संवाद सादतले.

सरकारान साकर वेपाऱ्यां खातीर साकर सांठ्याची मर्यादा 4 हजार क्विंटला वयल्यान 2 हजार क्विंटल मेरेन उणी केल्या. हो नेम ह्या म्हयन्याचे 15 तारखे सावन अंदू 30 नोव्हेंबर मेरेन लागू उरतलो. ह्या नव्या मर्यादे फाटलो हेत म्हळ्यार संग्रहणाचेर आळाबंदा हाडप, गिरायकांच्या हिताची राखण करपा खातीर फावो ती साकर उपलब्धताय सुनिश्चीत करप आनी दर स्थीर करप अशे आसा. सुदारीत तरतुदी खाला खंयच्याच साकर वेपाऱ्याक मेळिल्ल्या तारखे सावन 30 दिसां परस चड काळ साठो दवरूंक मेळचो ना.

जम्मू काश्मिर अधिवेशन -
येता त्या २१ सप्टेंबरसावन सुरू जावपी अधिवेशनासावन जम्मू-काश्मीर विधानसभेत 'पेपरलेस' म्हळ्यार (कागदविरहित) प्रणालीचो वापर करतले असो म्हत्वाचो निर्णय घेतला. कायदो, न्याय आनी संसदीय कामकाज विभागान जारी केल्ल्या परिपत्रकाप्रमाण, अधिवेशनाकडेन संबंधित सगळे कायदेविशीचे कामकाज 'नॅशनल ई-विधान ॲप्लिकेशन' (NeVA) वरवी चलयतले.

भारतीय हवामान खात्यान आयज छत्तीसगड, उदेंत मध्य प्रदेश आनी उत्तराखंडातल्या कांय वाठारानी पावस पडपाची शिटकावणी दिल्या. हवामान खात्यान अरुणाचल प्रदेश, आसाम, मेघालय, बिहार, हरियाणा, चंडीगढ आनी दिल्लीत आयज व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. हिमाचल प्रदेश, झारखंड, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम, त्रिपुरा, ओडिशा, पंजाब, उत्तर प्रदेश, विदर्भा, अस्तंत बंगाल, सिक्किम आनी अस्तंत मध्य प्रदेश ह्या वाठारानी लेगीत व्हड पावसाची शक्यताय आसा.

भारतीय क्रिकेट नियामक मंडळ - बीसीसीआयान अफगाणिस्तान पंगडा आडच्या टी-२० आंतरराश्ट्री क्रिकेट खेळा माळेखातीर १५ वांगड्यांच्या भारतीय पंगडाची घोषणा केल्या. श्रेयस अय्यर कर्णधार आसतलो, तर तिलक वर्माची उपकर्णधार म्हूण निवड केल्या. १५ वर्सां पिरायेचो खेळगडो वैभव सूर्यवंशी हाचोय भारतीय टी-२० पंगडात आस्पाव केला.

येवपी तेराव्या 'संवसारीक स्ट्रेंथलिफ्टिंग आनी इंक्लायन बेंच प्रेस (आयबीपी) वस्तादपण 2026' सर्तींत भारताचें प्रतिनिधित्व करपा खातीर सिक्किमांतल्या चार स्ट्रेंथलिफ्टरांची निवड जाल्या. 8 ते 12 सप्टेंबर मेरेन किर्गिस्तानांत ही सर्त जातली.

हातूंत वांटो घेवपाक वेंचून काडिल्ल्या खेळगड्यांत पेमा दोर्जी भूतिया, मिलन प्रधान, बिनू सुब्बा, संगीता तामांग हांचो आस्पाव जाता.

बॅडमिंटनांत लक्ष सेन, किदम्बी श्रीकांत आनी तन्वी शर्मा हे भारतांतले मुखेल शटलर आयज शेनझेनांत जावपी चीन मास्टर्स सुपर 750 सर्तींत आपली मोहीम सुरू करतले. तशेंच दादल्यांच्या दोट्टी गटांत सात्विकसैराज रांकिरेड्डी आनी चिराग शेट्टी भारताचे फुडारपण करतले.